# गोंय पयल्या क्रमांकाचे राज्य करपाक लोकांचे सहकार्य म्हत्वाचे – मुख्यमंत्री

ता. 1 फेब्रूवारी 2018

12 माघ 1939

गोंय हे देशातले पयल्या क्रमांकाचे राज्य करपाखातीर लोकांचे सहकार्य आनी तेको चड म्हत्वाचो आसा अशें मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी काल कांदोळी हांगा पर्यटन संचालनालय आनी गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळान स्वदेश दर्शन येवजणेखाला बांदलेल्या पयल्या भौशिक सुविधा प्रकल्पाचे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळाचे अध्यक्ष आमदार श्री. निलेश काब्राल, उपसभापती श्री. मायकल लोबो, कांदोळीचे सरपंच ब्लेझ फर्नांडिस, जिल्हो पंचायत वांगडी श्री. दत्तप्रसाद दाभोळकर आनी हेर मोनस्त हया वेळार हजर आशिल्ले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगले, गोंय राज्य 2 ऑक्टोबर 2018 मेरेन उघडयार घाण करपापासून मुक्त जातले. गोंयातल्या सगळयां कुटुंबांक शौचालय सुविधा उपलब्ध करतले. गोंय हे पर्यटन स्थळ आशिल्ल्यान नितळसाण म्हत्वाची आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

पर्यटनमंत्री श्री. आजगांवकर हांणी राज्यात पर्यटन साधनसुविधांच्या विकासाखातीर केंद्र सरकारान स्वदेश दर्शन येवजणेखाला 200 कोटी रूपयांचो निधी दिला आनी राज्यातल्या सगळयां दर्या वाठारांत पर्यटकांच्या सोयीखातीर आवश्यक सुविधा उपलब्ध करतले, अशें सांगले.

श्री. मायकल लांबो हांणी स्वदेश दर्शन येवजणेखाला कांदोळी वाठारात पयलो भौशिक सुविधा प्रकल्प बांदला आनी हया प्रकल्पाची योग्य देखभाल करपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले. कांदोळी वाठारात भुरगीं आनी जांण्टेल्याखातीर गार्डन बांदले, अशेंय तांणी सांगले.

आमदार श्री. निलेश काब्राल हांणी स्वदेश दर्शन येवजणेखाला 14 कोटी रूपया खर्च करून बांदलेल्या प्रकल्पात पार्किंग, प्रसाधन सुविधा, फूड-कोर्ट, गार्डन अशों सुविधां आसून प्रकल्पात नितळसाण दवरपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले.

गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळाचे व्यवस्थापकीय संचालक श्री. निखिल देसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. डॉम्निक कुलासो हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले आनी श्री. रामकृष्ण केरकर हांणी निमणे उपकार मानले.